## डीईओ कडल्यान मुद्रक आनी प्रकाशकांक नोटिसी

ता. 11 जानेवारी 2022

उत्तर गोंय जिल्हा न्यायदंडाधिकारी आनी जिल्हा वेंचणूक अधिकाऱ्यान 14 फेब्रुवारी 2022 दिसा थारायिल्ल्या गोंय विधानसभा वेंचणूकेच्या फाटभुंयेर लोकप्रतिनिधी कायदो 1951 च्या कलम 127 अ च्या तजवीजेचे उल्लघन केल्ले खातीर उत्तर गोंयांतल्या अनेक मुद्रक आनी प्रकाशकांक नोटिसी धाडल्यात.

जिल्हा न्यायदंडाधिकारी आनी जिल्हा वेंचणूक अधिकाऱ्यान मुद्रक आनी प्रकाशकांक खंयचोय उमेदवार, तांचो एजंट वा खंयच्याय राजकीय पक्षाखातीर कसलेय वेंचणूक पत्रक वा पोस्टर वा अशा तरेचे हेर साहित्य शापतना कायद्याक पाळो दिवपाचो आनी शापिल्ले वेंचणूक पत्रक वा पोस्टर वा अशा तरेच्या हेर साहित्याचेर मुद्रक/ प्रकाशकाचे नांव, नामो स्पश्ट पणान शापपाचो आदेश दिला. तशेंच शापिल्ल्या साहित्याच्यो प्रती शापिल्ल्या तारखेपासून तीन दिसाभितर संबंदीत जिल्हा वेंचणूक अधिकाऱ्याक धाडपाक जाय.

कायद्याचे उल्लघन करपी आनी वेंचणूक आयोगान जारी केल्ल्या आदेशाक पाळो न दिवपी मुद्रक / प्रकाशकांचे परवाने रद्द करपा वांगडाच कायदेशीर कारवाय जातली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/36

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji